**<u>सुवर्ण विजय मशाल यात्रेक फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर येवकार</u>**

ता. 15 सप्टेंबर 2021

लश्कराच्या 6व्या तांत्रिकीं प्रशिक्षण रेजिमेंट आनी 2 सिग्नल प्रशिक्षण केंद्रान आयज आयोजीत कार्यावळींत फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर सुवर्ण विजय मशाल यात्रेक लश्करी सन्मानान येवकार दिलो. 1971 च्या झुजातल्या सैनिकांचो सत्कार करपा खातीर आयोजीत कार्यावळींक कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे आनी नागरी प्रशासनातले वरिश्ट अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

1971 च्या झुजांत म्हान त्याग केल्ल्या शूरवीरांच्या सन्मानाक कला आनी संस्कृती मंत्र्यान हुतात्मा स्मारकाचेर पुश्पचक्र ओपले आनी सैनिकांचो यादस्तीक भेटोवन सन्मान केलो.

ह्या वेळार उलयताना श्री. गावडे हांणी सैन्य दळांतल्या जवानांच्या आनी खास करून मदतीची गरज आशिल्ल्या आदल्या सैनिकांच्या मदती खातीर नागरिकांनी फुडें येवपाचो उलो मारलो.

फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जाल्ली लश्कराची ही कार्यावळ गोंयांतली निमाणी कार्यावळ आसा आनी आता ही यात्रा दुसऱ्या राज्यांत भोंवून 16 डिसेंबर 2021 दिसा नवी दिल्लीत यात्रेचो समारोप जातलो. ह्या कार्यावळींत व्हडा संख्येन सहभागी जाल्ल्या गोंयच्या नागरिकांखातीर ही अभिमानाची आनी सन्मानाची गजाल जावन आसा.

म्हा /सप/ प्रना / विगां/ 2021/768

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji